PRABODHAN EDUCATION SOCIETY'S

VIDYA PRABODHINI COLLEGE OF COMMERCE, EDUCATION, COMPUTER AND MANAGEMENT, VIDYANAGAR, PARVARI, GOA.

**S.Y.B.A.B.Ed. SEMESTER END EXAMINATION**

**APRIL 2019 (REGULAR/REPEAT)**

**SUB:KONKANI (ELECTIVE) KONKANI ONE ACT PLAY**

**SEMESTER:IV    CLASS: S.Y.B.A.B.Ed.    DURATION: 02 HOURS    MAX. MARKS:70 MARKS**

---

सुचोवण्यो: 1. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.
2. प्रस्ना सामकार दरेका प्रस्नाचे गूण बरयल्यात.
3. नवी जाप नव्या पानार बरोवची.

---

**प्र 1.** सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन प्रस्नांच्यो** जापो बरयात. **(2x6=12)**

क. एकांकीचे प्रकार बरोवन खंयच्याय दोन प्रकारांचेर उजवाड घालात.

ख. कोंकणी एकांकीन गोंया भायर मूळ धरलें. भासाभास करात.

ग. कोंकणींतल्या खंयच्याय एका एकांकीकाराच्या वावराची वळख तुमच्या उतरांनी बरयात.

**प्र.2.**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन प्रस्नांच्यो** जापो बरयात. **(3x4=12)**

क. 'खामसुत्री बावले खंय खंय पावले' हे एकांकींत तरनाटो खंयचे प्रस्न मांडटा?

ख. 'वनमहोत्सव' हो माथाळो एकांकींतलो विरोधाभास कसो दाखयता हें तुमच्या उतरांनी सांगात.

ग. 'हीं झुजां सैमाचीं' हे एकांकींत समाजांतल्या खंयच्या अंधश्रद्धांचेर बडी मारल्या?

घ. 'पुण्यफळ' हे एकांकींतल्यान बरोवपी पाप-पुण्यांची संकल्पना कशी मांडटा?

**प्र 3.** सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन वळींचें** संदर्भा सयत स्पश्टीकरण बरयात. **(3x4=12)**

क. "म्हजेर अधिकार गाजोवपी अजून जल्माक येंवचो आसा."

ख. "तुज्या घरकान्नीच्या मरणाक न्हय हांव जापसालदार.."

ग. "जितलो चड शिकता तितलो हो साक चड जड लागता."

घ. "सुण्याक सुद्दां तूं पांव दिता आनी म्हाका मात दिना मरे?"

**प्र.4.**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन प्रस्नांच्यो** जापो बरयात. **(3x4=12)**

क. 'हीं झुजां सैमाची' हे एकांकींतल्या किर्तनकाराच्या भुमिकेचेर भाश्य करात.

ख. 'खामसुत्री बावले खंय खंय पावले' हे एकांकींत सरकारी कर्मचाऱ्यांचेर बरोवप्यान कशी बडी मारल्या?

ग. 'मायपास' हो माथाळो त्या एकांकीक कसो फावो जाता? तुमचीं कारणां बरयात.

घ. 'वनमहोत्सव' हे एकांकींतल्यान बरोवपी आमकां खंयचो संदेश दिता?

**प्र.5**. सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** विशयांचेर टिपो बरयात. **(2x6=12)**

क. 'पुण्यफळ'- भिकाऱ्याचो भूतकाळ

ख. मायपास - फुलकारांचो स्वभाव

ग. 'खामसुत्री बावले खंय खंय पावले'- आशय

**प्र.6 अ)** 'गोंय आनी उड्डाणपूलाची गरज' ह्या विशयाचेर संवाद लेखन करात. **(05)**

**ब)** सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **(5x1=05)**

क. चालू वर्तमान काळांत एक वाक्य बरयात.

ख. सुमन फाल्यां सकाळीं विमानान मुंबय वतलें. (काळ वळखून बरयात.)

ग. दामोदरान कळोवणी सगळ्यांक वाचून दाखयली. (वाक्य चालू भूतकाळांत बरयात.)

घ. रेशा कमला बरोबर पणजे पिक्चराक वतलें. (वाक्य अतिपुर्ण भूतकाळांत बरयात.)

ङ निश्चीत भविश्य काळांत एक वाक्य बरयात.

****************************************************************************